Panaji national news 03.08.2025, 6.30pm

## व्हडली अर्थवेवस्था

भारत संवसारांतली तिसरी व्हडली अर्थवेवस्था जावपाचे वाटेर आसा अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सांगलां. देखून भारतान आपल्या अर्थीक हितसंबंदा विशीं जागृत उरपाक जाय. उत्तर प्रदेशांतल्या वाराणसींत काल सुमार 2200 कोटी रुपयांच्या उदरगतीच्या कामांचो बुन्याद घालून आनी उक्तावण करून ते मेळाव्यांक संबोधीत करताले. सध्या संवसारीक अर्थवेवस्थेक जायत्यो अनिश्चितताय आनी अस्थिरतायेचें वातावरण आसा अशें श्री मोदी हांणी उक्तायलें. अशे परिस्थितींत संवसारभरांतलीं राश्ट्रां आपल्या हिताचेर लक्ष केंद्रीत करतात.नागरिकांकय कांय जापसालदारक्यो आसतात अशें प्रधानमंत्री हांणी सांगलें. सगळयांनी स्वदेशी खातीर प्रतिज्ञा घेवची असो उलो तांणी मारला. ताणें स्वदेशीची व्याख्या भारतीयाच्या घामान आनी यत्नांनी तयार केल्ली खंयचीय वस्तू अशी केली, राष्ट्राक “व्होकल फॉर लोकल” हो मंत्र आपणावपाचो उलो मारलो. “मेक इन इंडिया” उत्पादांचो प्रचार करपाचें उतर दिवचें अशें प्रधानमंत्री हांणी नागरिकांक उलो मारला. आमच्या घरांत भितर सरपी दरेक नवी वस्तू स्वदेशी आसूंक जाय, आनी ही जापसालदारकी दरेका भारतीयान आपणावपाक जाय अशें श्री मोदी हांणी सांगलें. दरेका वेपाऱ्याक आनी दुकानदाराक फकत स्वदेशी उत्पादनां विकपाची प्रतिज्ञा करची अशें आवाहन प्रधानमंत्र्यान केलें आनी ही राष्ट्राची खरी सेवा आसतली अशें पुष्टी केलें. येवपी महोत्सवाच्या हंगामांत लोकांनी स्वदेशी उत्पादनांचो वापर करचो असो उलो तांणी मारलो आनी ही महात्मा गांधीक खरी श्रद्धांजली जातली अशें सांगलें.

“आयुर्वेद आहरा

भारतीय अन्न सुरक्षा आनी मानक प्राधिकरणान आयुष मंत्रालयाच्या सल्ल्यान “आयुर्वेद आहरा” ह्या वर्गा खाला आयुर्वेदीक अन्न तयार करपाची एक निश्र्चीत वळेरी जाहीर केल्या. हें म्हत्वाचें पावल भारताची काळान मान मेळिल्ली अन्न बुद्धी मुखेल प्रवाहांत हाडटा, 2022 वर्सा अन्न सुरक्षीतताय आनी मानक (आयुर्वेद आहारा) नियमन सुरू जाले उपरांत.ह्या नेमांक लागून अधिकृत आयुर्वेदीक ग्रंथांतल्यान पाककृती, घटक आनी प्रक्रिया हांचेर आदारीत खाणां-जेवणांक मान्यताय मेळळया आनी नवी वळेरी गिरायकांक आनी वेवसायांक अपूर्व स्पश्टताय आनी आत्मविस्वास हाडटा सारकेंच.नेमाच्या अनुसुची ब च्या टिप (1) खाला जारी केल्ली ही वळेरी अनुसुची अ त दिल्ल्या शास्त्रीय आयुर्वेदीक ग्रंथांतल्यान थेट घेतल्या, जाका लागून ह्या अन्न सुत्रांची प्रामाणीकता आनी पारंपारीक आदार सुनिश्चीत जाता. आयुर्वेद आहारा उत्पाद तयार करपा खातीर स्पश्ट आनी विस्वासांत घेवपा सारको संदर्भ दिवन अन्न वेवसाय संचालकांक मजत करपाचो हे उपक्रम आसा.आयुष मंत्रालयाचे राज्य मंत्री (आयसी) आनी भलायकी आनी कुटुंब कल्याण मंत्रालयाचे राज्य मंत्री श्री प्रताप्राव जाधव हांणी नागरिकांनी आयुर्वेद आहाराचो दीर्घकाळ भलायकेचे फायदे अणभवपा खातीर तांच्या दिसपट्ट्या जिणेंत आस्पाव करचो असो उलो मारला. वेळान चांचणी केल्लीं ह्यो आहार पद्दती फकत कुडीक पोशण दितात अशें न्हय तर रोगप्रतिकार शक्त घटमूट करतात, पचनक्रियाक आदार दितात आनी एकंदर बरेपणाक चालना दितात अशें तांणी भर दिलो.भौशीक भलायकी बऱ्या परिणामां खातीर आयुर्वेद आदारीत पोशण व्यापकपणान आपणावपाक प्रोत्साहन दितनाच उद्देगीक भागधारकां खातीर नियामक स्पश्टताय वाडोवपाक हो उपक्रम एक म्हत्वाचो खीण थारता.

## हायड्रोजन प्लांट

दीनदयाल बंदर प्राधिकरण, कंदला हांणी कंदला हांगा बंदर क्षेत्रांत भारताचो पयलो मेक-इन-इंडिया ग्रीन हायड्रोजन प्लांट सुरू केला. बंदर प्राधिकरणान म्हणलां, प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या नेट झीरो दृश्टीकोना कडेन ही एक बळिश्ट पावल. सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत श्री मोदी हांणी सांगलें, हो एक तोखणायेचो यत्न, टिकावूपणाची चॅम्पियनशीप करपी आनी नेट-झीरो दृश्टीकोनाक बळगें दिवपी.

## फिलीपीन्साचे अध्यक्ष

फिलीपीन्साचे अध्यक्ष फर्डिनांड आर मार्कोस जुनियर फाल्यां दनपारां भारताक पांच दिसांच्या राज्य भेटींत नवी दिल्ली पावतले. ताचे वांगडा पयली लेडी लुईस अरानेटा मार्कोस आनी वेवसायीक प्रतिनिधी वांगडाच जायते मंत्रीमंडळ मंत्री, हेर मानेस्त आनी वरिश्ठ अधिकारी हांचो आस्पाव आशिल्लो उंचेल्या पांवड्याचो शिश्टमंडळ आसतलो. फिलीपीन्साच्या अध्यक्षपदाचो पदभार घेतल्या उपरांत राष्ट्राध्यक्ष मार्कोसाची ही पयलीच भारत भेट आसतली. हे भेटी वेळार प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आनी राष्ट्राध्यक्ष मार्कोस हांचे मदीं मंगळारा द्विपक्षीय चर्चा जावपाची आसा. राष्ट्राध्यक्ष मार्कोस राष्ट्राध्यक्ष द्रौपदी मुर्मूकय मेळटले. हे भेटी वेळार परराश्ट्र मंत्री डॉ. राष्ट्राध्यक्ष मार्कोस फिलीपीन्सांत परत येवचे पयलीं बेंगळुरूकय भेट दितले.